# व्याजमुक्त शिक्षण कर्ज येवजण

ता. 31 जुलय 2018
9 आषाढ 1940

गोंय शिक्षण विकास महामंडळान 2918-19 शिक्षणीक वर्साखातीर व्याजमुक्त शिक्षण कर्ज येवजणेची घोशणा केल्या. हया येजवणेचे अर्ज आनी माहिती पुस्तिका (नवीन आनी नुतनीकरण) ता. 1 ऑगस्ट 2018 ते 31 ऑक्टोबर 2018 मेरेन गोंय शिक्षण विकास महामंडळ, तळमजलो, एससीईआरटी इमारत, आल्त-पर्वरी हांगा सकाळी 10.00 ते दनपरा 12.30 आनी 2.00 ते सांजेच्या 5.00 मेरेन उपलब्ध आसतले.

पुराय भरिल्ले अर्ज ता. 9 नोव्हेंबर 2018 मेरेन माहिती पुस्तीकेत दिल्ल्या सगळया दाखल्यांच्यो प्रती, सीडीची सॉफ्टकॉपी 100 केबी परस चड आनी 2 एमबी परस कमी आकारात जेपीजी वा पीडीएफ स्वरूपात महामंडळाच्या कार्यालयात सुपूर्द करपाक जाय. ता. 9 नोव्हेंबर 2018 उपरांत अर्ज स्वीकारचे ना. जर विद्यार्थी देशाभायर शिकता आसत जाल्यार पॉवर ऑफ ॲटर्नी आशिल्ले विद्यार्थ्याचे पालक अर्ज भरून महामंडळाच्या कार्यालयात सुपूर्द करपाक शकता.